**वंदे मातरम् कोस्टल सायक्लोथॉन रॅली 15 फेब्रुवारी दिसा गोंयांत पावतली**

ता. 13 जानेवारी 2026

केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळाची वंदे मातरम् कोस्टल सायक्लोथॉन रॅली 15 फेब्रुवारी 2026 दिसा गोंयच्या चिकली गावांत पावतली. ही सायक्लोथॉन रॅली महाराष्ट्रातल्या सिंधुदुर्ग जिल्ह्यातल्यान गोंय राज्यांत प्रवेश करतली.

जानेवारीच्या निमण्या सप्तकात अस्तंते कडल्यान गुजरातांतलो लखपत किल्लो आनी पूर्वे कडल्यान पश्चिम बंगालच्या बक्खली हांगाच्यान ह्या रॅलीक सुरवात जाल्ली. "वंदे मातरम्" च्या 150 व्या वर्सुकीं दिसानिमतान देशाच्या दर्यादिगे कडल्या विवीध राज्यांतल्यान प्रवास करून थळाव्या संस्कृतीचो प्रचार करप, दर्यादिग आनी सागरी सुरक्षा जागृताय करप आनी देशाच्या नील अर्थवेवस्थेक चालना दिवप हो रॅलीचो उद्देश आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/124

--

---------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.